# सांखळे 'साहित्य मंच' कार्यावळ दबाज्यान

**भांगरभूंय । प्रतिनिधी**

**पणजी:** सांखळेच्या सरकारी म्हाविद्यालयांत केंद्रीय साहित्य अकादेमीची 'साहित्य मंच' ही कार्यावळ व्हड दबाज्यान जाली. ही कार्यावळ साहित्य अकादेमीन सांखळी कोंकणी सेवा केंद्र आनी सांखळेचें सरकारी म्हाविद्यालय हांच्या जोड पालवान घडोवन हाडली.

ह्या मंचांत 'कोंकणींतल्यो इतिहासीक कादंबऱ्यो' ह्या विशयाचेर परिसंवाद जालो. तातूंत ग्लिनी डायस, उर्वशी नायक आनी ज्योकीं पिंटो हांचें वळेरीन 'यूग सांवार', 'कातर रे भाजी' आनी 'सरदारांचे सिनोल' ह्या कादंबरींचेर पेपर वाचन जालें.



कार्यावळींत उलयतना गुणाजी देसाय. कुशीक ग्लिनी डायस, ज्योकीं पिंटो आनी उर्वशी नायक.

सुरवेक कोंकणी सेवा केंद्राचे अध्यक्ष राजन शेटये हांणी येवकार दिलो. प्राचार्य नामदेव गांवस हांणी सुवाळ्याचें प्रास्तावीक केलें. ह्या वेळार साहित्य अकादेमीचे प्रतिनिधी मेल्वीन रॉड्रिक्स तशेंच म्हाविद्यालयाची पालवी प्राचार्य डॉ. सोनिया सिरसाट हांचीं उलोवपां जालीं.

उपकार साहित्य अकादेमीच्या सल्लागार समितीचे वांगडी झिलू गांवकार हांणी आठयले. कार्यावळीचें सुत्रसंचालन सुविद्य धारवाडकार आनी संपदा केरकार हांणी केलें.